## Panaji National 26th August 2025 6.30 pm

PM – 165

भारताच्या मेक इन इंडिया प्रवासात एक नवो अध्याय जोडता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां. मेक इन इंडिया आनी मेक फॉर द वर्ल्ड ह्या राष्ट्रीय ध्येयांत आयज म्हत्वाचो दीस अशें तांणी सांगलें. गुजरातांतल्या टीडीएस लिथियम आयन बॅटरी प्लांटांत हायब्रीड बॅटरी इलॅक्ट्रोडांचें उत्पादनाचो शुभारंभ केल्या उपरांत तांणी उपस्थितांक उद्देशून उलोवप केले. हो प्रसंग भारत आनी जपान हांचे मदल्या इश्टागतींत नवो आयाम जोडटलो अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

भारत आनी जपान हांचे मदल्या वाडत्या भागीदारीचो उल्लेख प्रधानमंत्र्यांनी केलो. 2047 मेरेन भारताच्या आत्मनिर्भर जावपाच्या प्रवासांत जपान एक मुखेल उदरगत भागीदार आशिल्ल्याचे तांणी परत एकदा अधोरेखित केले. भारता कडेन लोकशायेचे बळगें, काम करपी तरणाट्यांची व्हड प्रमाणांत  संख्या आनी कुशळ कामगारांची व्हड संख्या आसा अशें मोदी हांणी सांगलें. भारताच्या दरेका भागीदार देशाखातीर ही एक फायदेशीर परिस्थिती आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.मारुती सुझुकी सारकिल्ल्यो कंपनी मेक इन इंडियाचे ब्रँड अँबॅसेडर जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज गुजरातांतल्या हंसलपूरांत मेड इन इंडिया बॅटरी इलेक्ट्रीक वाहनां (बीईव्ही) ‘ई-वितारा’क पांचवो बावतो दाखयलो. युरोप, जपान सारक्या मुखेल बाजारपेठे सयत शंबरां वयर देशांनी ही वाहनां निर्यात करतले.

PM Japan – 55

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी बिरेस्तारा जपानच्या भोंवडेर वतले. जपानचे प्रधानमंत्री शिगेरू इशिबा हांचे बरोबर 15व्या भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर  मोदी 29 आनी 30 ऑगस्टाक जपानांत आसतले. आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना परराश्ट्र सचीव विक्रम मिस्री हांणी सांगलें, वर्सुकी शिखर सभेक लागून दोनूय प्रधानमंत्र्यांक द्विपक्षीय संबंदांचो खोलायेन नियाळ घेवपाची आनी प्रगतीचो नियाळ घेवपाची संद मेळटली.

CDS – 75

भारताची स्वनिर्मित आयरन डोम प्रणाली सुदर्शन चक्र रणनिती, नागरी आनी राश्ट्रीय म्हत्वाच्या सुवातींची राखण करतली अशें प्रमुख रक्षा अध्यक्ष, जनरल अनिल चौहान

हांणी सांगलें. मध्य प्रदेशांतल्या आर्मी वॉर कॉलेजीत आयज झुज, युद्धनीति आनी युद्ध-संघर्ष विशीं‌च्या तिनूय सेनांच्या दोन दिसांची संवाद कार्यावळ रण संवाद-2025त उलोवप करतना चौहान हांणी सांगलें, हे प्रणालीत घटमूट मुळावी बांदावळ आनी प्रक्रियांचो विकास आसपावीत आसतलो. ऑपरेशन सिंदूर सारक्या आधुनीक झुजांत प्रगत संरक्षण तंत्रगिन्यानाचीं जायतीं उदाहरणां दिल्यांत अशें प्रमुख रक्षा अध्यक्षनी सांगलें.

Amit Shah – 70

गृहमंत्री अमित शाह हाणी आयज नवी दिल्लींत जावपी दोन दिसांच्या वाइब्रेंट व्हिलेज प्रोग्राम कार्यशाळेच्या उक्तावण अधिवेशनांत उलोवप केलें. गृह मंत्रालयाच्या शिमे वेवस्थापन खात्यान ताचें आयोजन केलां. ह्या वेळार शाह हाणी सांगलें, हि वाइब्रेंट व्हिलेज कार्यावळ तीन मुखेल मुद्द्यांचेर आदारीत आसा. तातूंत शिमेवयल्या गांवांतल्यान स्थलांतर थांबवप आनी ह्या गांवांतल्या दरेकल्याक केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या येवजण्यांचो पुराय फायदो मेळचो हाची खात्री करप, तशेंच शिम आनी राश्ट्रीय सुरक्षा घटमूट करपाची एक घटमूट यंत्रणा म्हूण गांवांची उदरगत करप हांचो आस्पाव जाता.

IMD – 50

हवामान खात्यान आयज दिल्ली, पंजाब, राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, आंध्र प्रदेश, ओडिशा, जम्मू आनी काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टीस्तान आनी मुझफ्फरबादात काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडले 2-3 दीस छत्तीसगढ, कर्नाटक, केरळ, कोंकण, गोंय, महाराष्ट्र, तेलंगणा, उत्तराखंड, मध्य प्रदेश आनी भारताच्या ईशान्य वाठारांनी उटनगराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Hockey –30

बिहारांतल्या राजगीरांत जावपी हॉकी दादल्यांच्या आशिया कप 2025 च्या सगळ्या मॅचीं खातीर भेटीदारांक प्रवेश फुकट आसतलो अशें हॉकी इंडियान जाहीर केलां. ही सर्त राजगीर हॉकी स्टेडियमांत 29 ऑगस्ट ते 7 सप्टेंबर मेरेन जातली.